Panaji national 27 feb 2025 at 6.30 pm

आकाशवाणी पणजीच्या

Pm 140

एकतेचो महायज्ञ म्हणून महाकुंभाचे स्वागत करताना प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आज भारताक आपल्या दायजाचो अभिमान आसाआणि एका नव्या ऊर्जेन वाटचाल करता अशे म्हणला. आधुनिक व्यवस्थापन व्यावसायिक, नियोजन आणि धोरण तज्ज्ञांखातीर हो अभ्यासाचो विषय आसा अशे सांगुन प्रधानमंत्रयानी प्रयागराजातल्या महाकुंभाच्या यशाचे कौतुक केले. जगात खंयुच या प्रमाणाचे समांतर उदाहरण ना आणि 144 वर्सा उपरांत संतांनी परत एकदा विकसित भारत - विकसित भारताखातीर एक नवा संदेश दिला अशे तांणी म्हणले. मोदींनी आज शेअर केल्या ब्लॉगात हे विचार मांडले. न्हयांच्या संगमाच्या काठार प्रयागराजात कोट्यवधी लोक कशे जमले हे जगान अजापान पळयले

हाचेर मोदींनी भर दिलो. या लोकांक औपचारिक आमंत्रणा आणि केन्ना वचपाचे याबद्दल पूराय म्हायीती नाशिल्ली तरीय कोटय़वधी लोक आपापल्या परीन महाकुंभाक गेले आणि पवित्र उदकांत न्हाण केल्याची आखोस अणभवली. पवित्र न्हाणा उपरांत अपार आनंद आणि समाधान पसरवपी ती तोंडा हांव विसरूंक शकना ,अशे मोदीन म्हणले. बायला, जाणटी, दिव्यांग भाव –भयणी प्रत्येकाक संगमार वचपाचो मार्ग सापडलो अशे ते उलयले

Sitharaman 90

जागतिक पावंड्पार सगळ्या आव्हानांचो फुडो करत भारत विकासाच्या दिशेन वाटचाल करता. आज नवी दिल्लीत एका मीडिया कॉन्क्लेव्हात उलयताना, mantri सीतारामन हांणी म्हणले, की जागतिक पुरवण साखळी अशी आसा जंय एकाग्रतेची जोखीम आव्हानां उभी करता. हो काळ खूप मनोरंजक पण खूप आव्हानात्मक आसा. नवीन जागतिक व्यवस्थेत व्यापार आणि तंत्रज्ञान महत्त्वपूर्ण भूमिका निभायतली आणि भारताक त्यातुंत सहभागी जावपाची गरज

आसा. सुश्री सीतारामन हांणी म्हणले, की विकसित देशांकुय तंत्रज्ञान आणि प्रतिभा आवश्यक आसा. भारताक आपल्या धोरणात्मक गरजोअजेंडाच्या शीर्षस्थानार दवरच्यो पडटल्यो. वाढत्या मध्यमवर्गीय, गरीब आणि उद्येजक वर्गाच्यो आकांक्षा पूराय करपाक खुपशो मूळाव्यो समस्या सोडोवपाक जाय अशे तांणी म्हळे.

Udan 150

चेन्नई आंतरराष्ट्रीय विमानतळार आज केंद्रीय नागरी विमान येरादारी मंत्री किंजरप्पू राममोहन नायडू हांणी उडान यात्री कॅफेचे उक्तावण केले. प्रसारमाध्यमांकडे संवाद साधताना मंत्रयान म्हणले की अशा प्रकारचे कॅफे देशातल्या सगळ्या विमानतळांचेर विस्तारित करतले . पाणी, चहा, कॉफी, फराळ आणि स्थानिक मिठाई अशा उदक ते स पदार्थांची १० ते १५ रुपयांना विक्री जाल्लान

हाचो प्रवाशांक फायदो जातलो, अशे ताणी म्हणले. फाटल्या डिसेंबरात कोलकाता विमानतळार अशा पयल्या कॅफेचे उक्तावण केला अशे त्यांनी नमूद केले. सदची 30 हजारांची विक्री जाता चेन्नई विमानतळावेल्या आणीक एका टर्मिनलचे 26 मार्चाक उक्तावण करतले

चेन्नई विमानतळाखातीर नवीन टर्मिनल बांधतले अशीय माहिती मंत्र्यांनी दिली.

जेन्ना-जेन्ना तिकिटांचे दर चड आसतात तन्ना सरकार संबंधित विमान कंपन्यांकडे चर्चा करता. ,पुण प्रवासी सेवांखातीर निरोगी स्पर्धा अधिक बरी आशिल्याचे तांणी म्हणले. देशाच्या खंयच्याय खाचीकोनशातल्यान प्रवास करपी प्रवाशांखातीर उडान येवजण वाढोवपाचो सरकारचा विचार आसा, अशी माहितीय त्यांनी दिली. तांणी म्हणले की, चेन्नई हे पूर्वेचे प्रवेशद्वार म्हणून काम करत आशिल्यान विस्ताराची गरज आसा आणि परांदूर विमानतळाखातीर तत्वत: मान्यताय दिल्या

गोयल 150

केंद्रीय वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांणी आयज मुंबयंत इंडिया कॉलिंग कॉन्फरन्स 2025 चें उक्तावण केलें. मेक इन इंडिया, डिजिटल इंडिया, स्टार्टअप इंडिया, आत्मनिर्भर भारत हाचे सयत भारत सरकाराच्या धोरणात्मक उपक्रमांक लागून नवनिर्माण, मुळावी बांदावळ उदरगत आनी अर्थीक रुपांतर अपूर्व पातळेचेर चालना मेळटा अशें परिशदेत उलायताना पीयूष गोयल हांणी सांगलें. देशांत व्हड संदी निर्माण जातात.आदल्या काळांत उत्पादनांचो दर्जो हो एक मुखेल हुस्को आशिल्लो, उण्या दर्ज्याच्या साहित्याक लागून आंतरराष्ट्रीय मळार ताची सुवात उणी जाली. आयज भारत दर्जेदार क्रांतीच्या केंद्रस्थानार आसा. तुमी बऱ्यो उत्पादन पद्दती पाळपाची गरज आसा. टिकावूपण हो वेपार आनी वेपाराचो आनीक एक म्हत्वाचे आंग शे गोयल हाणी सांगलें. खंयचेय अर्थवेवस्थे खातीर समावेशक वाड म्हत्वाची. कुशळटाय विकासाक लागून अर्थवेवस्था घटमूट जाता अशें तांणी नदरेक हाडलें. कुशळटाय उदरगती वरवीं फुडाराक आनीक नोकऱ्यो निर्माण जातल्यो अशें तांणी सांगलें, सरकाराचेर आदारून रावचे परस आमची कार्यक्षमताय आनी स्पर्धात्मकता वाडोवपाची गरज आसा. संवसारीक अर्थीक उदरगतींत भारत कसो मुखार आसा, वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी गुंतवणूक करपाक अतुलनीय संद दिता हाचेर परिशदेंत भर दिलो.

उर्सुला 120

युरोपीय आयोगाची अध्यक्ष उर्सुला वॉन डेर लेयन आयज दनपारां दिल्ली पावली ती ईयू कॉलेज ऑफ कमिशनर्सच्या पयलेच भारत भेटीचे फुडारपण करतात . भलायकी आनी कुटुंब कल्याण राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल हांणी विमानतळार तांकां येवकार दिलो. सांजवेळार परराश्ट्र मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हांका ती मेळटली . प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्यां युरोपीय आयोगाच्या अध्यक्षा कडे शिष्ट मंडळ स्तरीय चर्चा करतले. आमच्या खबरकाराच्या म्हणण्या प्रमाण युरोपीय संघटनेच्या 27 आयुक्तांतले 22 आयुक्त दोन दिसांच्या भारत भेटीचेर आसात. वाढत्या अभिसरणाचेर आदारिल्ले द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपाक वाट मेकळी जातली. भारत आनी युरोप हे 2004 सावन धोरणात्मक भागीदार आसात आनी तांचे द्विपक्षीय संबंद वेगवेगळ्या मळार विस्तारीत आनी खोलायेन वाडल्यात.